# नवी दिल्लीत ‘प्रजासत्ताक दीस, संचलनात गोंयची संस्कृती आनी प्रगतीचेर चित्ररथ प्रदर्शीत करतले

ता. 6 जानेवारी 2025

नवी दिल्लीत कर्तव्य पथार 26 जानेवारीक जावपी प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंय राज्याची संस्कृती आनी प्रगतीचेर चित्ररथ प्रदर्शीत करपात येतलो. दोन वर्सांच्या अंतरा उपरांत केंद्रीय संरक्षण मंत्रालयान प्रजासत्ताक दीस संचलना खातीर गोंयच्या चित्ररथाची निवड केल्या. कर्तव्य पथार 26 जानेवारीक जावपी प्रजासत्ताक दीस संचलना खातीर केंद्रीय संरक्षण मंत्रालयान राज्यां आनी संघप्रदेशासयत 15 चित्ररथांची तशेंच 10 मंत्रालय विभागांच्या चित्ररथांची निवड केल्या. “स्वर्णिम भारत-विरासत आनी विकास” अशी ह्या वर्साची संकल्पना आसा.

प्रजासत्ताक दिसा नवी दिल्लीत जावपी संचलन हे देशाचो म्हत्वाचो आनी भव्य उत्सव आसा. ह्या संचलनातल्यान भारतीय सांकृतीक वारशा सयत देशान संरक्षण, उद्देग, पर्यटन, विज्ञान आनी हेर साबार मळार केल्ल्या प्रगतीचे दर्शन घडयतात. संचलनात जावपी सांस्कृतीक वारशाचे प्रदर्शन म्हणल्यार देशाच्या एकतेचे प्रतीक जावन आसा. प्रत्येक वर्सा प्रजासत्ताक दिसा कर्तव्य पथार राष्ट्पती भवन ते इंडिया गेट, लाल किल्लो अशें संचलन जाता. प्रजासत्ताक संचलनात सहभागी जावपी चित्ररथ, सांस्कृतीक कार्यक्रम आनी कवायतींची तयारी आनी तालीम एका म्हयन्यासावन सुरू जाता.

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जातले. “स्वर्णिम भारत-विरासत आनी विकास” ह्या चित्ररथाच्या संकल्पनेतल्यान गोंयची संस्कृती, परंपरा, सैमीक सोबीतकाय आनी विकासाचे दर्शन घडोवपात येतले. नवी दिल्लीत देशाच्या राजधानीत “स्वर्णिम भारत-विरासत आनी विकास” ह्या संकल्पनेचेर गोंयचो चित्ररथ तयार करून प्रदर्शीत करपा खातीर फोंडे वाठारांतले नामनेचे कलाकार श्री. सुशांत खेडेकार हांची राज्य सरकारान निवड केल्या. गोंयचो चित्ररथ तयार करपाचे काम नवी दिल्लीत राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात नेटान चालू आसा. श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या देखरेखीखाला गोंयचे कलाकांर चित्ररथ तयार करपाचे काम करतात, अशी म्हायती खात्याचे संचालक दीपक बांदेकर हांणी दिली.

“दिवजां” हे चित्ररथाचे एक खाशेले आकर्शण आसतले, जी गोंयची सांस्कृतीक वळख जावन आसा. गोंयच्या संस्कृती आनी परंपरेत मातयेच्या दिवजाक पवित्र आनी धर्मिक म्हत्व आसा. गोंयांत देव-देवतांच्या जात्रां आनी उत्सवांनी नेणार चलयों आनी सुहासिनी बायलों दिवजां अर्पित करून देवदेवतांचो आर्शीवाद घेतात. दिवजा पेटोवपाच्या आदी पाच दिस सावन उपवास आनी पवित्रताय पाळपाचे अनुश्ठान करतात. दिवजांचो लखलखतो उजवाड पवित्र आनी सकारात्मक उर्जा निर्माण करता.

गोंयच्या चित्ररथा वरवीं गोंयच्या कावी कलेचेय दर्शन घडोवपात येतले. गोंयांत पुराण काळासावन कावी कला प्रचलीत आसा. लाल रंगातली कावी कला खास करून देवळांनी पळोवक मेळटा. सध्या गोंयची कावी कला न्हय फकत देशांत जाल्यार जगाच्या नकाशाचेर पावल्या. गोंयची कावी कला ही गोंयच्या समृध्द सांस्कृतीक वारशाचो भाग जावन आसा. राष्ट्रीय मळार कावी कलेक मान्यताय मेळिल्ली आसा. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या मन की बात कार्यक्रमातल्यान गोंयच्या कावी कलेची तोखणाय केल्या.

गोंय हे संवसारांतल्या पर्यटकांचे आकर्शण आसून चित्ररथा वरवीं दर्यावेळो, उदका खेळ, आग्वादचे दीपगृहाचेय दर्शन घडोवपात येतले. गोंयान सैमिक सोबितकाय आनी सांस्कृतीक वारसो आनी इतिहासिक दायज सांबाळून केल्ल्या प्रगतीचेय दर्शन घडयतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/20

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.